# राज्यात कंत्राटी शेत लागवडीक प्रोत्साहन दिवपाचो विचार आसा- मुख्यमंत्री

ता. 6 डिसेंबर 2017
15 मार्गशीष 1939

राज्यातल्या शेती उत्पादनांत वाड करपाखातीर कंत्राटी पद्दतीचेर शेती लागवड करपाक प्रोत्साहन दिवपाचो सरकाराचो विचार आसा. ज्या व्यक्तीक शेत जमनीचे मोल खबर आसा, तीच व्यक्ती त्या शेत जमनीत बरे शेती उत्पादन घेवपाक शकता आनी आपली मिळकत वाडोवपा वांगडाच राज्याच्या विकासाक योगदान दिवपाक शकता, अशें मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी काल करंजाळे हांगा कृषी भवनात आयोजित कार्यक्रमात गोंयातल्या शेती लागवड करपात येवपी आनी पडंग शेत जमनीच्या सर्वेक्षण अहवालाचे विमोचन केले उपरांत उलयताना सांगले.

शेतकीमंत्री श्री. विजय सरदेसाय, उदका स्त्रोतमंत्री श्री. विनोद पालयेकर, शेतकी खात्याचे सचिव श्री. बी. आर. सिंग, आयसीएआर चे संचालक श्री. ई. चाकुरकर आनी शेतकी खात्याचे अधिकारी ह्यावेळार हजर आशिल्ले.

श्री. विजय सरदेसाय हांणी ह्या वेळार उलयताना सांगलें, 2022 मेरेन शेतकऱ्यांच्या उत्पन्नात दुपेटीन वाड करपाचे उद्दीश्ट प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी दवरिल्ले आसा. गोंयच्या शेतकऱ्यांनी आपल्या शेत जमनीचो दर्जो तपासून घेवचो आनी सेंद्रीय खताचो वापर करून शेती लागवड करची, अशेंय तांणी सांगले.

डॉ. एस. के. सिंग हांणी शेती जमनीच्या अहवालाची म्हायती दिली. शेतकी खात्याचे संचालक श्री. नेल्सन फिगरेदो हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. पालवी संचालक श्री. चिंतामणी पेरणी हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले तर दिपक राऊत हांणी निमणे उपकार मानले.